Panaji National 2nd October 2026 0840

देश 'reform एक्सप्रेस' चेर वेगान वाटचाल करता आनी परीक्षा घेवपी संस्थांनी लेगीत देशाची गरज लक्षांत घेवन सुधारणा करपाचें काम करपाक जाय अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें.
आज राष्ट्रपिता महात्मा गांधीच्या १५७ व्या जयंतीनिमित्तन देश तांका आर्गां ओपता. गांधी जयंती निमित्तान आज देशभर खासा ग्रामसभांचें आयोजन केला.
महानदी उदकाचो वाद सोडोवपा खातीर गृहमंत्री अमित शाहान छत्तीसगढ आनी ओडिशाच्या मुख्यमंत्र्यां कडेन बसका घेतली.
केंद्रीय शेती आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान आयज गोंयाक भेट दितात.

PM UPSC –
देश 'reform एक्सप्रेस' चेर वेगान वाटचाल करता आनी परीक्षा घेवपी संस्थांनी लेगीत देशाची गरज लक्षांत घेवन सुधारणा करपाचें काम करपाक जाय अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलें. ते काल नवी दिल्लींतल्या भारत मंडपमात 'केंद्रीय लोकसेवा आयोगा'च्या (UPSC) शताब्दी सुवाळ्यांत उलयताले. मोदी हांणी सांगलां, परीक्षा फकत एक कार्यक्रम म्हणून पळोवची न्हय, कारण ती युवांचें फुडारा कडेन संबंदीत आसा.

Prez –
आज राष्ट्रपिता महात्मा गांधीच्या १५७ व्या जयंतीनिमित्तन देश तांका आर्गां ओपता. संवसारांतल्या जायत्या वाठारांनी चालू आशिल्ल्या झुजाच्या आनी संघर्शाच्या वातावरणांत महात्मा गांधीचो शांती आनी अहिंसेचो संदेश आनीकय प्रासंगीक जाला अशें राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी गांधी जयंतीनित्त्य दिल्ल्या संदेशात म्हळां. महात्मा गांधींचे जीवन आनी तांचे विचार हांचो जागतिक पांवड्यार मोठ्या प्रमाणार आदर करतात, असेही त्यांनी नमूद केले.

Gramsabha –

गांधी जयंती निमित्तान आज देशभर खासा ग्रामसभांचें आयोजन केला. पंचायती घटमूट करप, भौशीक सेवा सुदारप आनी गांवगिऱ्या भारतांत जिणेचो दर्जो वाडोवपाच्या हेतान परिवर्तनकारी शासन सुदारणां आनी उपक्रमांचेर ह्या सभांनी विचारविनिमय करतले. ह्या खाशेल्या ग्रामसभांनी पीपल्स प्लॅन कॅम्पेन (पीपीसी) 2026-27, सबकी योजना, सबका विकास' हाचीय सुरवात जातली अशें ग्रामीण उदरगत मंत्रालयान सांगलें. ह्या अभियानाखाला ग्रामपंचायती आर्थिक वर्स २०२७-२८ खातीर लोकसहभाग आनी उपलब्ध तथ्यांचेर आदारीत आपले विकास आराखडे तयार करतली. 2018 सावन सगळ्या राज्यांनी आनी केंद्रशासित प्रदेशांनी जन येवजण मोहीम राबितो केल्या, जाका लागून पंचायतींक सर्वांगीण, समावेशक आनी सहभागात्मक उदरगत येवजण्यो तयार करपाक मेळटा. देशभरांतल्यो २ लाख ५५ हजारां परस चड ग्रामपंचायती आपले आराखडे तयार करून 'ई-ग्राम स्वराज' पोर्टलाचेर अपलोड करतात. आयच्या ह्या ग्रामसभांनी सामान्य नागरिक आनी स्थानिक प्रतिनिधी एकठांय येवन सरकारी येवजनांच्या अंमलबजावणीचो आनी लोकांक मेळपी फायद्यांचो नियाळ घेतले. तशेंच, आपल्या गांवांच्या विकासा खातीर खच्या बाबींक प्राधान्य दिवपाचें, हाचेरय चर्चा करून निर्णय घेतले.

Seva Sankalp Abhiyaan 2 Oct –

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी भौशिक लोकसेवेंतली 25 वर्सां पुराय करतात; हो प्रवास 'जनसेवेतल्यान राष्ट्रसेवा' या मंत्रान आणि अविरत समर्पणाच्या भावनेन घडला. सेवा आणि सुशासनाच्या याच दृष्टिकोनातल्यान प्रेरित जावन, सरकार २०४७ मरेन 'विकसित भारत' हे उद्दिष्ट साध्य करपाक अथक प्रयत्न करता. सर्वसमावेशक विकास आणि सामाजिक सक्षमीकरणाच्या माध्यमातल्यान ही निष्ठा लोकांचे जीवन बदलता. आजच्या आमच्या विशेष मालिकेत, बँकिंग मळाच्या स्वच्छते वरवी हो दृष्टिकोन कृतीत कसो हाडलो हाचे एक उदाहरण आम्ही सादर करता.

भारतातल्या क्रेडिट मार्केटाक विकासाचो ध्यास न्हय, तर 'फोन बँकिंग' मुखार व्हरताले.योग्य कार्यालयातल्यान आयल्ल्या एका फोनाक लागून सदच्या तपासणी प्रक्रिये बगर मर्जीतल्या कर्जदाराक मोठे कर्ज मेळपाक शकताले.सत्तेर आयल्या उपरांत

मोदी सरकारान रोखडेच Asset Quality Review म्हळ्यार मालमत्ता गुणवत्ता पुनरावलोकन करपाचो आदेश दिलो.
ताका लागून दरेक बँकेक आपल्या थकीत आनी बुडीत रिणांची स्थिती प्रामाणीकपणान वर्गीकृत करची पडली. उपरांत भौशीक क्षेत्रांतल्या बँकांतले बुडीत रिणाचें प्रमाण सुमार 15 टक्के आशिल्ल्याचें समोर आयले.
हाचेर उपाय म्हणून '४R' धोरण – Recognition , Resolution , Recapitalisation , आनी Reforms , – लागू केल्ली. हाका Insolvency and Bankruptcy Code हाचो आधार मेळ्ळो.
बुडीत मालमत्तांचे निराकरण केले, बँकांचें पुनर्भांडवलीकरण केलें आनी बँकांचें प्रशासन आनीक कडक केले.

Shah –
बऱ्याच काळासावन चालू आशिल्ल्या महानदी उदका वाद सोडोवपा खातीर काल केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह हांच्या अध्यक्शतेखाला नवी दिल्लींत बसका जाली. हे बसकेंत केंद्रीय जल शक्ती मंत्री सी.आर.पाटिल, छत्तीसगड आनी ओडिशाचे मुख्यमंत्री आनी हेर वरिश्ठ अधिकारी हाजीर आशिल्ले.
छत्तीसगढ आनी ओडिशा हांचे मदीं महानदी उदक वाटपा विशींचो वाद कितलींशींच वर्सां सावन प्रलंबित आसा. ओडिशान नोव्हेंबर 2016 वर्सा केंद्र सरकाराक हो वाद सोडोवपा खातीर Tribunal स्थापन करपाची विनंती केल्ली. हो प्रस्न सुटावो करपाक उलोवणी अपेशी थारले उपरांत मार्च 2018 वर्सा महानदी उदका वाद Tribunal ची स्थापणूक जाली.

Shivraj Goa –
केंद्रीय शेती आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान आयज गोंयाक भेट दितात. फोड्या एका कार्यावळींत ते  शेतकार आनी नागरिकां कडेन संवाद सादतले. पंचायतीचे वांगडी आनी नगरसेवक ऑनलायन माध्यमातल्यान सहभागी जातले.

Chouhan –
नितळसाण फकत मोहिमेच्या काळापुरती मर्यादित उरूंक फावना, तर ती लोकांच्या वागणुकीचो आनी दिसपट्ट्या जिणेचो एक अभिन्न भाग जावंक जाय हजेर कृशी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी भर दिलो. कृषी आनी शेतकार कल्याण मंत्रालय तशेंच ग्रामीण विकास मंत्रालयाच्या सचिव आनी वरिष्ठ अधिकाऱ्यां कडेन व्हर्च्युअल बसकेंत ते काल उलयताले.

Govt. sugar –
सरकारान साखर व्यापाऱ्यां खातीर साठो दवरपाची कालावधी उणी करून १५ दिसांचेर हाड्ल्या आनी साठो दवरपाची मर्यादा १ हजार क्विंटल इटली निश्चित केल्या. हे नवे नियम ह्या म्हयन्याच्या १५ तारखेच्यान लागू जातले आनी ह्या वर्साच्या नोव्हेंबर म्हयन्यापर्यंत लागू उरतले. ग्राहक व्यवहार मंत्रालयान सांगलां की, सणासुदीच्या काळांत साखरेची साठेबाजी आडावपाखातीर आनी गिरायकांक साखरेची सुरळीत पुरवण सुनिश्चित करपाक सरकारान साखरेच्या साठवणुकीसंबंधीचे नेम बदलल्यात.

Kautilya –
'Resilience in an Age of Flux' बदलाच्या काळात लवचिकता ह्या विशयाचेर फाल्या सावन नवी दिल्लींत 5 वी कौटिल्य अर्थीक परिशद जातली. अर्थ मंत्रालयान सांगलां, तीन दिसांच्या ह्या परिषदेंत ३० देशांतल्यान ८० परदेशी सहभागीं संयत १८० परस चड धोरणकर्ते, अर्थतज्ज्ञ, शिक्षणतज्ज्ञ, आर्थिक क्षेत्रांतले तज्ज्ञ आनी आंतरराष्ट्रीय विचारवंत एकठांय येतले.मंत्रालयान सांगलां की, परिषदेंत पुराय अधिवेशनां, परस्परसंवादी समांतर सत्रां आनी गोलमेज चर्चा जावपाच्यो आसात. ह्या गोलमेज चर्चांचो भर विदेशी थेट गुंतवणूक आकर्शित करप आनी दीर्घकालीन गुंतवणुकी खातीर देशांतर्गत भांडवल उबारप ह्या सारक्या विषयांचेर आसतलो. परिषदेच्या पयल्या दिसा उपराष्ट्रपती सी. पी. राधाकृष्णन उक्तावणाचें भाषण करतले. ह्या परिषदेंत अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन, परराष्ट्र व्यवहार मंत्री डॉ. एस. जयशंकर आनी हेर केंद्रीय मंत्रीय मार्गदर्शन करतले. भारतीय रिझर्व्ह बँकेचे गव्हर्नर संजय मल्होत्रा हांचें खासा भाषणय परिषदेंत आसतलें, अशी माहिती मंत्रालयान दिली.

IMD –

भारतीय हवामान खात्यान (IMD) आज अरुणाचल प्रदेशात उटनगराचो पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. केरळम, माहे, लक्षद्वीप, तमिळनाडू पुडुचेरी आनी कराईकलात वीज आनी वादळी वाऱ्या वांगडा गडगड येवपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.

Asia – 50

जपानांतल्या आशियाई खेळां सर्तींत भारताच्या पदकांची एकूण संख्या 66 जाल्या, तातूंत 10 भांगरा, 23 रुप्या आनी 33 कांस्य पदकांचो आस्पाव जाता.दादल्यांच्या हॉकी पंगडान रोमांचक सेमीफायनलींत कट्टर प्रतिस्पर्धी पाकिस्तानाक 4-3 अशे हारोवन फायनलींत पावल घाले जाल्यार क्रिकेट पंगडान श्रीलंकेक 124 धांवड्यांनी हारोवन भांगरा पदकाच्या मॅचींत सुवात मेळयली.